Akashwani Panaji regional news 7.25 am 19th April 2026

Rashmi

आंतर राज्य लुटमारांक जापसालदार आशिल्ल्या 6 बांगलादेशी चोरांक गोंय पुलिशेन काल राती धरले . गोयांत ह्या चोरयेच्या टोळीन दोन चोरयो केल्ल्यो.दील्ली पुलिसाच्या जोडपालवान गोंय पुलिशेन ही खासा मोहीम राबयली. म्हापसा आनी दोनापावला चोरी प्रकरणात ह्या चोरांचो आसपाव आशील्लो.चोरी करतना घरात आशील्ल्या मनशांक बंदुक दाखोवन भिववप,चोरी करपाचे म्हापसा आनी दोनापावलाचे प्रकरण बरेच गाजील्ले. पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी हे वीशी गोंय पुलिशैची तुस्त करीत चोरी प्रकरणां सोडोवपी गोंय पोलिसांक 50 हजार रुपया बक्षिस दिवपाचे जाहीर केला.

Pm

राष्ट्राचे हित आपल्या सरकाराचें मुखेल प्राधान्य आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. काल रातीं राष्ट्राक मार्गदर्शन करतना प्रधानमंत्र्यानी, सरकारान सगळ्यांत बरे आनी प्रामाणीक यत्न केल्यार लेगीत नारी शक्ति वंदन अधिनियमांत दुरुस्ती संबंदीत कायदो संमत करपाक मेळूंक ना हाजी खंत उक्तायल्या . ताणी सगळ्या आवय-भयणीं कडेन प्रामाणीकपणानदिलगिरी व्यक्त केली . जेन्ना कांय जाणांक तांचो पक्ष सर्वस्व जाता तेन्ना ताचे परिणाम बायलांचें सशक्तीकरण आनी राश्ट्रहित ह्या दोनूय गजालींक सोंसचे पडटात. बायलां हिताचे हो कायदो हारलो तेन्ना काँग्रेस, डीएमके, एसपी, टीएमसी सारकिले पक्ष ताळयो मारताले हें पळोवन दुक्ख झाले अशें तांणी सांगलें. प्रधानमंत्र्यानी तांची ही कृती बायलांच्या स्वाभिमानाक आनी आत्मसम्मानाक एक धको असा अशें म्हणलें. कॉग्रेस पक्षान बायलांच्या सशाक्तीकरनाची संद चुकाय्ली अशे प्रधान्मान्त्र्यानी म्हणले

आकाशवाणी पणजी-

आकाशवाणी पणजी केंद्रान 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.तेखातीर पात्रताय आनी अटी अशो आसात :

उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. ताची पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर उमेदवाराचो आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरून ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा - 403001 हांगा सादर करचो. निवड प्रक्रिया लेखी परीक्षा आनी मुलाखत अशा दोन पांवड्यार जातली. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026 आसा. अधिक म्हायती खातीर rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

sushant

शारांतल्या पॉवर हाऊस सर्कल/दवर्ली सर्कल ते रावणफोंड सर्कला मेरेन 4-लेन उड्डाण पूल रस्त्याचें बांदकाम चालू आसून ह्या उड्डाण पूल रस्त्याच्या खांब्याचेर काँक्रिटाच्यो पाटयों (girder) उबारपाचे काम 20 ते 24 एप्रिल 2026 मेरेन करतले. गर्डर उबारपाचे काम चालू आसतना कसल्योच आडमेळीं येवच्यो न्हय आनी सुरक्षीत पणान काम जावचे म्हूण पॉवर हावस सर्कल/दवर्ली सर्कल ते रावणफोंड सर्कला मेरेनच्या वाठारांत येरादारीचेर निर्बंध घाल्यात.

पॉवर हावस सर्कल/दवर्ली सर्कल ते रावणफोंड सर्कला मेरेनच्या रस्त्याचेर येरादारीचेर पुराय पणान निर्बंध आसतलो

Rashmi/ganesh

राष्ट्रीय परशुराम परिषद गोंय विभाग तशेच म्हायती आनी प्रसारण खात्यान पणजेंत गोमंत जनक भगवान परशुराम अवतरण महोत्सव आयोजीत केला. गोंय मनरिजवण संसथे मुखार आशिल्ल्या भगवान परशुराम पुतळ्याच्या वाठारांत 19 ते 26 एप्रील २०२६ मेरेन हो महोत्सव जातलो अशी म्हायती  राष्ट्रीय परशुराम परिषद अध्याय गोवा गोवा प्रद्शाचे अध्यक्ष प्रेमपाल सिंग हांणी दिली. काल पणजेंत जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. हे वेळार गजेंद्र सिंग राजपूत, डॉ. अमित नागर, महेश कांदोळकार हाजीर आशिल्ले. भगवान परशुराम हांच्या जयंती निमतान हो उत्सव मनयतात. गोंयची निर्मिती भगवान परशुराम हांणी केल्ली. देखून गोयातूय हो महोत्सव घडोवन हाडपाचें आमी थारायलां. हाचे आदीं आमी परशुराम संबंदीत गोंयांतल्या वेगवेगळ्या सुवातींक भेट दिल्या अशे ताणी मुखार सांगले.

Imd

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयांत चादांत चढ तापमान ३४ degree celcius जाल्यार उन्यात उणे तापमान २५ degree celcius नोंद जाला